**गोंय विद्यापीठान प्रकल्प सहाय्यक पदांखातीर अर्ज मागयल्यात**

ता. 15 नोव्हेंबर 2024

गोंय विद्यापीठान ICSSR-पुरस्कृत " "Soulful Journeys: Integrating Therapeutic Indigenous Cuisines, Wellness Programs, and Philosophical Counselling for Sustainable and Holistic Tourism in Goa,s Hinterland – A Vision for Developed India 2047" ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक दोन प्रकल्प सहाय्यक पदाच्या सुवातां खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात.

उमेदवारा कडेन कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पदव्युत्तर पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 20,000/- रूपया पगार आसतलो. प्रकल्पाचो कालावधी स म्हयन्यांचो आसा. उमेदवाराक गोंयच्या ग्रामीण वाठारांत वचून लोकांकडल्यान घरगुती औषधोपचार आनी पाकशास्त्राविशी म्हायती एकटाय करची पडटली.

इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपले अर्ज सीव्ही आनी आवश्यक दाखल्यां सयत तत्वज्ञान अभ्यासक डॉ. वॉल्टर मिनेझिस, संस्कृत तत्वज्ञान विभाग हांका email: menezes@unigoa.ac.in चेर धाडचे. मुलाखत 22 नोव्हेंबर 2024 दिसा सांजेच्या 3.00 वरांचेर संस्कृत तत्वज्ञान विभाग, गोंय विद्यापीठ हांगा जातली. उमेदवारांनी मुलाखतीक येतान आपले मुळ दाखले वांगडा हाडपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/645

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.